# <u>मुख्यमंत्र्याकडल्यान गोंयच्या लोकांक स्वातंत्र्य दिसाची परबीं</u>

ता. 14 ऑगस्ट 2023

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी गोंयच्या लोकांक आनी आमच्या देशाच्या समस्त नागरिकांक स्वातंत्र्य दिसाची उर्बेभरीत परबीं भेटयल्या. मुख्यमंत्री आपल्या संदेशात म्हणटा, " 1947 वर्सा ह्याच दिसा भारताक स्वातंत्र्य मेळ्ळे. आमच्या भारत देशाच्या स्वातंत्र्या खातीर आपल्या जीणेचो त्याग केल्ल्या समस्त राष्ट्रभक्त आनी स्वातंत्र्य सैनिकांक हांव नमन करता.

भारत देशान स्वातंत्र्या उपरांच्या काळांत उदरगतीच्या सगळ्यां क्षेत्रांत नेटान प्रगती करून आयज भारत संवसारांत नेटान प्रगती करपी एक राष्ट्र जाल्ले आसा. सरकारान सामाजिक आनी साधनसुविधांच्या विकासाचेर भर दिवन लोकांच्या जीणेत सुदारणा घडोवन हाडल्या. लोकांचो निर्धार आनी एकजूटीक लागून हे शक्य जाल्ले आसा. समाजातल्या दुबळ्या घटकांच्या सशक्तिकरणाखातीर केंद्र तशेंच राज्य सरकारान कल्याणकारी येवजणांची अंमलबजावणी केल्या.

आमच्या भारत देशाच्या स्वातंत्र्या खातीर आपल्या जीणेचो त्याग केल्ल्या समस्त शूरवीरांच्या आत्म्यांक आमी नमन करूया आनी एकजूट आनी देशभक्तिच्या भावनेन राष्ट्र आनी राज्याच्या विकासा खातीर कटीबद्द जावया, अशें मुख्यमंत्री आपल्या संदेशात म्हणटा.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2023/635

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.